# दोतोर दे सोटो
# Doctor De Soto



लेखक - विलियम स्टॅग
कोंकणी अणकार – वीणा प्रभु गांवकर
अणकार सहाय्य - कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय

**दोतोर दे सोटो खूब धाडशी दोतोर...**

**पूण, एका हुंदरान कोल्याक तपासप हें शाणेपणाचें?**



न्यूबॅरी हॉनर पुस्तक

अमेरिकन लायब्ररी असोसिएशन नोटेबल पुस्तक

बॉस्टन ग्लोब-हॉर्न बूक अवॉड्र्स, हॉनर बूक फॉर इलस्ट्रेशन



# दोतोर दे सोटो



लेखक - विलियम स्टॅग
कोंकणी अणकार – वीणा प्रभु गांवकर
अणकार सहाय्य - कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय




दोतोर दे सोटो, हो दांताचो दोतोर. तो खूब बरें काम करतालो आनी ते खातीर तांचे कडेन दुयेंतींची रांक लागताली. चिचुंदर, चानी हीं ल्हान जनावरां ताचे कडेन तपासपाक येतालीं.

तशेंच मोटीं जनावरां जमनेर बसतालीं आनी दोतोर दे सोटो निसणीच्या आदारान तांकां तपासतालो.



सामक्या व्हडल्या जनावरांक तपासपा खातीर ताची वेगळी कूड आसली. थंय दोतोर दे सोटो, आपली सहकारी तशेंच घरकान्नेच्या आदारान दुयेंतीच्या तोंडा मेरेन पावतालो आनी तांकां तपासतालो.







दोतोर दे सोटो व्हड जनावरां मदीं चड फामाद आशिल्लो. तो तांच्या तोंडा भितर वचून रब्बराचें जोतें घालून तांकां तपासतालो. ताचो हातगूण सामको बरो आनी ड्रिल सवकास दुखयनासतना वापरतालो, ते खातीर दुयेंतींक मातूय दुखनासले.




हुंदीर जाल्ल्यान, हुंदराक खावपी जनावरांक तो तपास नासलो. तसो बोर्ड ताणें दारा भायर मारिल्लो. तांच्या घराच्या दाराची बॅल वाजताली तेन्ना दोतोर दे सोटो आनी ताची घरकान्न बल्कांवांत वचून जनेलांतल्यान भायर पळयतालीं. तीं दोगांय माजराक लेगीत भितर घेनासली.



एक दीस, तीं दोगांय बल्कांवांत बसून भायर पळयतालीं. तेन्नाच तांकां एक सोबीत मुस्तायकी घाल्लो कोलो तांकां दिसलो. ताणें तोंडा भोंवतणीं एक कपडो बॅण्डेड कसो गुठलायिल्लो तांणी पळयले.



“म्हाका माफ कर, हांव तुका तपासपाक शकनां!” “सर! तुवें घरा भायर मारिल्लो बोर्ड वाचूंक ना?” दोतोर दे सोटोन आड्डून म्हणलें.



“म्हजेर उपकार जातले!! म्हाका खूब त्रास जाता. उपकार करून म्हजेर उपचार करात!” कोल्यान काकुळटेक येवन म्हणलें.



“मातशे रावात!” दोतोर दे सोटोन म्हणलें. “बाबडो कोलो... कितें करया?” हुंदरान हुंदुल्लेक विचारलें.

“बरें आसा. आमी हो धोको स्विकारया,” घरकान्नेन दोतोराक म्हणलें. तिणें बॅल वाजयली आनी कोल्याक भितर घेतलो.



कोलो रोखडोच सोपाणां चडून वयर आयलो. “तुमचें बरें जावं...” कोल्यान दिमी मारीत तांचे उपकार मानले. “उपकार करात म्हजेर. दांताची ही पिडा म्हाका नाका जाल्या. हाचेर बेगीन उपाय करात.”



"सर, अशे जमनीर बसात आनी उपकार करून तकलेक बांदिल्ली बॅण्डेड काडची," दोतोर दे सोटोन म्हणलें.



दोतोर दे सोटो निसणीच्या आदारान वयर चडलो आनी धाडसान कोल्याच्या तोंडांत देंवलो. “अरे!” दोतोरोन कोल्याच्या तोंडांत भितर पळयत म्हणलें. कोल्याचो एक दांत किडिल्लो आनी तातूंतल्यान घाण मारताली.

“आतां ह्या दांताक काडचोच पडटलो. पूण आमी तुका एक नवो दांत करून घालूंक शकता,” दोतोरान सांगलें.




दूख सोंसत आनी दोळयांतल्यान आयिल्लें दूक पुसत कोल्यान म्हणलें, “कितेंय करात आनी म्हजें दुखणें थांबयात.”

कोल्याक दांताचें दुखणें आसलेंच. ते भायर ताच्या तोंडांत एक रुचीक खावड आयल्या म्हणपाचें ताका जाणवल्ले. तें चिंतून ताची खाडकी वयर सकयल जाताली. “अरे, तोंड उकतेंच दवर,” दोतोर आड्डुलो. “सामकें आं करून तोंड उगड रे,” दोतोराली घरकान्न आड्डुली.



“तुजो दांत काडटना दुखचें न्हय म्हूण तुका भेरोवपाची गॅस दितां,” दोतोरान सांगलें. “तुजो दांत हांवें केन्ना काडलो तें तुका कळचें लेगीत ना.”

भेरोवपाची गॅस दितकच कोलो रोखडोच सपनेवपाक लागलो. “सु... सु... सुरबूस... म्हाका जिवेच खावपाक खूब आवडटा. थोडें मीठ आनी वांगडा व्हायट वायन!” कोलो गुणगुणलो.



तांकां दोगांकय कोलो कितें सपनेता ताचो अदमास आयलो. दोतोराचे घरकान्नेन दोतोराक कोल्याचें तोंड उकतें उरचें म्हूण एक तोणको दिलो.




दोतोर दे सोटोन कोल्याच्या वाट लागिल्ल्या दांताक मशिनाची गाच बांदली आनी दोगांय मशिनाची चाक घुंवडावपाक लागली. शेवटाक, “कच्यायक” असो आवाज करीत दांत मुळा सकट हुमटून वयर आयलो आनी वयर हुमकळपाक लागलो.



“आवयस! म्हज्या दांतांतल्यान रगत येता,” कोलो आड्डलो.

दोतोर निसणीचेर चडून ताच्या तोंडांत देंवलो आनी ताणें ताच्या फाळयांत कापूस चेपलो. “दांत काडपाचें काम जालें. फाल्यां मेरेन तुजो नवो दांत तयार जातलो. तूं हांगा सकाळीं इकरा वरांचेर यो.”


कोल्याक मातसो त्रास जातालो. देव बरें करूं म्हणून तो भायर सरलो. घरा वतना वाटेर तो चिंतूंक लागलो, कामा जाल्या उपरांत दे सोटो जोडप्याक खाल्यार कशें कितें काय?



काम सोंपल्या उपरांत, दोतोराचे घरकान्नेन भांगरा पसून दांत तयार केलो आनी बरो घासून ताका पॉलीश काडली. “मीठ लावन कच्चो खावपाक आवडटा खंय,” कोल्याचेर विस्वास दवरप म्हणल्यार पिशेपणां.

“तो सपनेतालो. तो कितें उलयतालो ते ताकाच खबर नासले,” घरकान्नेन म्हणलें. “आमी ताका मदत करता. तो आमकां कित्याक दुखयतलो?”

“कारण तो कोलो! ल्हान जनावरांक तो खाता,” दोतोर दे सोटोन म्हणलें.



ते राती दोतोराक हुस्क्यान न्हीद पडना जाली. “ताका फाल्यां भितर घेवप?” घरकान्नेन विचारलें.

“हांवें काम हातांत घेतलें काय तें सोंपयताच. म्हज्या बापाय वरी,” दोतोरान म्हणलें.

“पूण आमी स्वताचो जीव वाटोवपा खातीर कितें तरी उपाय काडूंक जाय,” दोतोराचे घरकान्नेन म्हणलें. तांकां उपाय सुच मेरेन तीं रातभर उलयत रावलीं. “म्हाका दिसता हो उपाय काम करतलो,” अशें म्हणत खिणा भितरच दोतोर दे सोटो व्हडल्या व्हडल्यान घोरेवपाक लागलो.



दुसऱ्या दिसा सकाळीं दोतोरान सांगिल्ले प्रमाण कोलो इकरा वरांचेर हांसत्या मुखामळान हजर जालो. आयज कोल्याक दांत मातूय दुखनासलो.



तपासपा खातीर दोतोर दे सोटो कोल्याच्या तोंडा भितर देंवलो, तेन्ना कोल्यान आपलें तोंड बंद केलें आनी रोखडेंच उकतें केलें. तो हांसत हांसत म्हणपाक लागलो, “हांवें फकांडां केलीं रे!”

“मातसो ओगी राव आं. आमकां आमचें काम करूंक दी,” दोतोरान म्हणलें. दोतोराली घरकान्न एक जड दांत घेवन सोपाणां चडटाली.



“आवयस! कितलो बरो दांत. खुबूच सोबीत दिसता,” कोल्यान म्हणलें.

दोतोर सोटोन भांगराळो दांत कोल्याच्या पयलीं आशिल्ल्या दांताच्या फोंडकुलांत दिस्त बसयलो. दांत बसयतकीर दांताचे दोनूय वटेन तार बांदली.

कोल्यान आपलो दांत जिबलेन ल्हवू चाकलो. “वा! दांत म्हाका खूब बरें दिसता. हांवें दोनूय हुंदरांक खावप समा न्हय. पूण तांकां खावपाचो विचार मनांतल्यान कसो काडूं?” कोलो चिंतूंक लागलो.



“अजून काम सोंपूंक ना” दोतोरान हातांत व्हडलो चेंबू धरत म्हणलें. “हांवें आनी म्हजे घरकान्नेन मेळून हालींच एक वखद तयार केलां. फकत एकदांच लायल्यार पुरो, तुजी सगळी पिडा वतली. हें वखद तुका जाय जाल्यार सांग,” दोतोर दे सोटोन म्हणलें.



“निश्चीतच! म्हजे खातीर ही मानाची गजाल,” कोल्यान म्हणलें. कोल्याक कसलेच तरेची पिडा सहन जायनासली.

“वखद लायल्या उपरांत तुका आमचे कडेन परत येवपाची गरज पडची ना,“ दोतोर दे सोटोन म्हणलें.

“मागीर तुका कोणूच पळोवचो ना,” कोल्यान मनांत चिंतलें. आपल्या नव्या ताल्ल दांताच्या आदारान दोगांकूय सोंपोवपाचो बेत कोल्यान मनांत रचिल्लो.



दोतोर दे सोटो हातांत वखदाचो चेंबू घेवन कोल्याच्या तोंडांत देंवलो. ताणें कोल्याच्या दरेका दांताक तें वखद लायलें. श्रीमती दे सोटो निसणीचेर उबी रावन पळयताली आनी खंय वखद लावपाचें उरलां तें सांगताली. कोलो सामको खोशी आसलो.



दांताच्या दोतोराचें काम जातकच तो कोल्याच्या तोंडांतल्यान भायर आयलो. “आतां नेटान तोंड धांप आनी एका मिणटा खातीर तोंड धांपून दवर,” दोतोर दे सोटोन सांगलें. कोल्यान तशेंच केलें. मागीर कोल्यान तोंड उगडपाचो यत्न केल्यार तोंड कशेंच उकतें जायना. ताच्यो दांताच्यो दोनूय माळो एकामेकांत आडकल्ल्यो.

“आरे देवा! एक गजाल हांव सांगपाक विसरलों,” दोतोर दे सोटोन कोल्याक म्हणलें. “तूं एक वा दोन दिसां खातीर तोंड उकतें करूंक शकचो ना. तशें केल्यारूच वखदाचो गूण पडटलो. तुका दांताची पिडा परत जावची ना.”



कोल्याक कितें करचें कांयच कळना जाले. तो दोतोर दे सोटो आनी ताचे घरकान्नेक पळयत उरलो. तीं दोगांय कोलेबाबाक हांसत्या मुखामळान पळयत रावलीं. गच्च धांपिल्ल्या तोंडांत ताणें “देव बरें करूं” म्हणून तांचे उपकार मानले आनी उठून चलत रावलो.”



कोलो नेटान सोपाणां वेल्यान देंवलो.

दोतोर दे सोटो आनी ताचे घरकान्नेन कोल्याक बुद्द शिकयली. दोगांनी खोशयेन एकामेकांचो उमो घेतलो आनी दीसभर आराम केलो.